# जिनो खेळां पुरस्कार भेटयले

ता. 18 डिसेंबर 2018
27 मार्गशीर्ष 1940

वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल हांचे हस्तूकीं आयज गोंय खेळां पत्रकार संघटणेन पणजे आयोजित केल्ल्या सुवाळयात डेन कुएल्हो (उत्कृश्ट स्पोर्ट्स मॅन), समीरा अब्राहम (उत्कृश्ट स्पोर्ट्स वुमन), तानिषा क्रास्टो (उदेंती खेळगडी),गोवा स्क्वे मार्शल आर्ट (उत्कृश्ट पंगड),काशिनाथ नायक (उत्कृश्ट प्रशिक्षक),केपें सरकारी कॉलेज (बायलांच्या गटांतली उत्कृश्ट कॉलेज), श्री दामोदर कॉलेज-मडगांव (दादल्यांच्या गटांतली उत्कृश्ट कॉलेज), अरविंद टेंगसे (उत्कृश्ट फोटोग्राफर),आल्फ्रेड फर्नांडिस (उत्कृश्ट इलेक्ट्रॉनिक मिडिया पत्रकार) हांका अंदूंच्या वर्साचे जिनो खेळां पुरस्कार भेटयले.

जिनो फार्मास्टयूटीकल्सचे चेअरमन आनी वेवस्थापकीय संचालक श्री. दिलीप साळगांवकर, डॉ. सागर साळगांवकर, गोंय खेळां पत्रकार संघटनेचे अध्यक्ष श्री.निरज प्रभू आनी हेर मानेस्त सुवाळयाक हजर आशिल्ले.

हया वेळार उलयताना श्री. काब्राल हांणी सांगले, खेळगडयांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर समाजान खेळगडयांच्या खेळातल्या योगदानाची दखल घेवपाची गरज आसा. तशेंच खेळगडयांनीय आपल्या खेळात सुदारणा करपाखातीर प्रयत्न करपाक जाय. खेळगडयांक साधनसुविधा उपलब्ध करपा खातीर सरकारान भर दिल्लो आसा, अशेंय तांणी सांगले.

श्री.काब्राल हांणी पालकांनी आपल्या भुरग्यांक खेळांनी भाग घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाचोय सल्लो दिलो.

श्री. दिलीप साळगांवकर हांणी उदेंत्या खेळगडयांच्या खेळां कौशल्याची दखल घेवन तांका प्रोत्साहन दिवप हो जिनो खेळां पुरस्काराचे उद्देश आशिल्ल्याचे सांगून अंदूंचे पुरस्कार जैतवंत खेळगडयांनी गोंयात चड लोकप्रिय नाशिल्ल्या खेळांनी बरे प्रदर्शन केला ही चड अभिमानाची गजाल जावन आसा, अशें सांगले.

ज्येश्ठ पत्रकार श्री. ज्योवितो लॉपीस हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले तर खेळां पत्रकार संघटनेचे सचिव श्री. महेश गांवकर हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1822